नमस्कार आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरा विभागावरवी सविता बर्वे तुमका

राष्ट्रीय खबरो दिता.

Date :18/06/2025 राष्ट्रीय खबरो

6.30 PM

भारतान पाकिस्तानाकडेन आशिल्ले प्रस्न सोडोवपाक तिसऱ्या पक्षाची मध्यस्थी केन्नाच मान्य करूंक ना आनी फुडारात लेगित मान्य करचो ना अशें अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी अमेरिकेचो राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांकां खरपणान सांगलां. भारत-अमेरिका वेपार कबलात आनी भारत आनी पाकिस्तानमदीं मध्यस्थी करपा खातीर खंयच्याय पांवड्यार अमेरिके वांगडा चर्चा जावंक ना अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मुखार सांगलां. प्रधानमंत्री मोदी हांणी अमेरिकेच्या राष्ट्राध्यक्षा वांगडा टेलिफोनाचेर संवाद सादलो अशें विदेश सचीव विक्रम मिश्री हांणी सांगलें. ऑपरेशन सिंदूराविशी म्हायती दितना विदेश सचीव विक्रम मिश्री हांणी सांगलें.

पाकिस्तानाचे विनंती प्रमाण भारत आनी पाकिस्तानामदीं थेट चर्चा जाता अशे प्रधानमंत्री मोदी हाणी स्पश्ट केलें.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी भौशीक क्षेत्रांतले उपक्रम घटमूट करून आनी खाजगी क्षेत्रांतले तज्ञ एकठांय करून संरक्षण क्षमता वाडोवपाचेर भर दिलो . संरक्षण पर्यावरण यंत्रणेंत खाजगी उद्देगांचें एकीकरण करून देश स्वदेशीपणाच्या यत्नांक गती दिवंक शकता तंणी सांगलें.

कॅनडाच्या येशस्वी भोवंडे उपरांत प्रधानमंत्री मोदी क्रोएशियाचे राजधानींत पावले. भारतीय प्रधानमंत्रीची ही पयलीच क्रोएशिया भेटद्विपक्षीय संबंदांत एक नवो अध्याय थारतली . हे भेटी वेळार दोनूय देशां मंदी विज्ञान आनी तंत्रगिन्यान, शेती, शिक्षण आनी संस्कृती मळार कबलाती जवपाची शक्यताय आसा .ताचे पयली

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी कॅनडात जाल्ल्या जी 7 शिखर परिषदेवेळार जी 7 फुडाऱ्यां वांगडा मुखेल जागतीक आव्हानां आनी सामायिक आकांक्षांचेर भासाभास केली .

बदलत्या संवसारांत उर्जा सुरक्षा, तंत्रगिन्यान, मुळावी बांदावळ आनी गुंतवणूक हांचे विशीं जी-7 परिषदेत चर्चा जाली . शाश्वत आणि हरित मार्गानं सगळ्यां खातीर उर्जा सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करपाची गरजेचेर ताणी भर दिलो . तशेच आंतरराष्ट्रीय सौर युती, आपत्ती लवचीक मुळावी बांदावळ मंच आनी जागतीक जैव इंधन युती अशा भारताच्या जागतीक उपक्रमांचेर तांणी खोलयेन चर्चा केली

रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्रालयान म्हामार्गांवेले प्रवास सोंपें करपाच्या हेतान 15 ऑगस्टा सावन वर्सुकी फास्टॅग पास सुरू करपाचो निर्णय घेतला. हेविशी रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगले (बाइट्स 24 sec). भाड्यान घेतिल्ल्या वाहनांक ही सुविधा मेळची ना. हाचे खातीर लिंक बेगीनूच हायवे यात्रा ॲप आनी भारताच्या राष्ट्रीय म्हामार्ग प्राधिकरणाच्या अधिकृत संकेतथळांचेर तशेंच रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्रालयाचेर मेळटलो अशेंय गडकरी हांणी मुखार सांगलें.

भारतीय नौदलान आयज विशाखापट्टणमांत जाल्ल्या इतिहासीक सुवाळ्यांत एंटी-सबमरीन वारफेयर शैलो वॉटर क्राफ्ट आयएनएस अर्नाळाचे अधिकृतपणान जलावरण केलें. ह्या कार्यावळीक संरक्षण मुखेल जनरल अनिल चौहान आनी हेर संरक्षण अधिकारी हाजीर आशिल्ले. आयएनएस अर्नाला उदकांपोंदा आशिल्ल्या धोक्यांक आळाबंदा हाडपाक सक्षम आसा आनी देशाची दर्यावेली तांक आनीक घटमूट करतली .

केंद्रीय कृशी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी हालींच जाल्ल्या विकसीत कृशी संकल्प अभियान मोहिमेत देशातल्या शेती संशोधन, विस्तार आनी उदरगतीच्या अपूर्व एकीकरणाचेर भर दिला.हे मोहिमेत देशभरांतल्या 1पूज्य 43 लाख गांवांतल्या 13पूज्य 4 कोटी शेतकारांनी वांटो घेतला अशे आयज नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना ताणी सांगलें.

केंद्रीय आयुश मंत्री प्रतापराव जाधव हांणी संवसारीक पांवड्यार योगाक एक परिवर्तनकारी भलायकी पद्दत म्हणून चालना दिवपा खातीर नरेंद्र मोदी सरकाराच्या सतत यत्नांचेर भर दिला. आकाशवाणीक दिल्ले खाशेले मुलाखतींत श्री जाधव हांणी फाटल्या 11 वर्सांत सरकारान केल्ल्या कामगिरीविशी म्हायती दिली . कामाक संबंदीत ताण हाताळपा खातीर कामाच्या सुवातेर वाय-ब्रेकसारक्या तंत्रां विशीं मार्गदर्शन केल्लें .

भारतीय अंतरिक्षयात्री शुबंशु शुक्लाक अंतरिक्षांत व्हरपी ॲक्सियम-4 अंतरिक्ष यानाचें प्रक्षेपण 22 जून मेरेन स्थगीत केलां. अमेरिकन अंतरिक्ष एजन्सी नासाक अंतरिक्ष प्रयोगशाळेच्या दुरुस्तीचे काम करपाचे आशील्यान हे प्रक्षेपण फुडें धुकलल्या अशें एक्सियम स्पेस कंपनीन सांगलां.

भारतिय हवामान खात्यान फुडल्या दोन-तीन दिसांत गुजरात मध्य महाराष्ट्र, दर्यादेगेवेल्या कर्नाटक, कोंकण आनी गोंयतल्या काय सुवातिनि घोगयानी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.तशेंच मेघालय, अस्तंत बंगाल, झारखंड आनी ओडिशा सयत देशाच्या वायव्य वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय imd उक्तायला

भारतीय कनिश्ट दादल्यांचो हॉकी पंगड चार राश्ट्रांच्या सर्तींत वांटो घेवपा खातीर आयज भायर सरलो . कर्णधार अरिजीत सिंग हुंडल हांच्या फुडारपणा खाला हो पंगड 21 जून दिसा यजमान जर्मनी आड खेळटलो.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर